**डॉ.  आंबेडकर हांची जयंती फकत समाज कल्याण संचालनालयांत मनयतले**

पणजी: 11  एप्रील 2020

डॉ.  बाबासाहेब आंबेडकर हांची 129वी जयंती 14  एप्रील 2020  ह्या दिसा समाज कल्याण संचालनालयाच्या पणजे मुख्यालयांत मनोवपाचो निर्णय सरकारान घेतला.  हे कार्यावळीक संचालनालयाचे मुख्य ढांच्याचेच कर्मचारी हजर आसतले आनी समाज कल्याण संचालक डॉ.  आंबेडकर हांच्या फोटवाक फुलां-हार घालतलें.

कोरोनोवायरस महामारी आनी तो पसरचो न्हय म्हूण घातिल्ल्या लॉकडावनाच्या फाटभुंयेर हो निर्णय घेतला.

भारतीय संविधानाचे जनक डॉ.  बाबासाहेब आंबेडकर हांची जयंती दर वर्सा 14 एप्रिलाक मनयतात. ह्या दिसा पणजेच्या आंबेडकर उद्यानांत राज्य पांवड्यावेली कार्यावळ जाताली. वेगवेगळे मानेस्त लोकांच्या उपस्थितींत डॉ. आंबेडकर हांच्या पुतळ्याक फुलां-हार घालताले.

कोविड-19  ह्या भलायकी आपत्तीच्या फाटभुंयेर कसलीच भौशीक कार्यावळ आयोजीत करची न्हय अशें आवाहन सगळ्या संघटणांक केला.

DI/NB/JA/AP/SAG /2020/1835

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA